गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातं

पणजी–गोंय

पत्रक

**<u>लोकजागृती खातीर तियात्र हे प्रभावी माध्यम- श्री. गावडे</u>**

ता. २२ ऑगस्ट २०१९

३१ श्रावण १९४१

लोकजागृती खातीर तियात्र हे प्रभावी माध्यम आसा आनी आमच्या तियात्रिस्तांनी आपल्या तियात्रांच्या माध्यमातल्यान एकजूट आनी गोंयची वळख राखून दवरपाचे म्हत्व पटोवन दिले. तांणी लोकांक अन्याया आड जागृत करपा खातीर तियात्र आनी गीतांचो माध्यम म्हुण वापर केसो, अशें कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी सांगले.

श्री. गावडे काल पाटो-पणजी हांगाच्या संस्कृती भवनात नामनेचे तियात्रिस्त सर्गेस्त आल्फ्रेड रोझ हांच्या जीणेवयल्या आल्फ्रेड रोझ, द किंग ऑफ मॅलोडी ह्या श्री. ईजिदोर दांतस हांणी बरयिल्ल्या पुस्तकाचे विमोचन सुवाळ्यात उलयताले.

त्रियात्रिस्त आनी कोंकणी गीतकारांनी आमची कोंकणी भास जगाच्या मळार पावयली. आल्फ्रेड रोझ हांचे योगदान म्हत्वाचे आसून आयज हे काम आयच्या तियात्रिस्तांनी आनी गीतकारांनी फुडें व्हरपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगले.

कला आनी संस्कृती संचालनालयान राज्यातल्या कलाकारां खातीर साबार येवजणो सूरू केल्ल्याचेय तांणी सांगले.

म्हापशेंचे आमदार श्री. जोशुआ डिसौझा हांणी आल्फ्रेड रोझ हांणी कोंकणी संगीत, तियात्र आनी गोंयच्या संस्कृतीच्या मळार मोलादीक योगदान दिल्ल्याचे सांगून गोंयच्या लोकांनी आपली कला आनी संस्कृती जतन करपाची गरज उक्तायली.

कला आनी संस्कृती सचीव श्री. चोखाराम गर्ग हांणी सरकार गोंयच्या कलाकारांच्या योगदानाची दखल घेवन गोंयचो सांस्कृतीक वारसो जतन करपाचे यत्न करता, अशें सांगून पर्यटक न्हय फकत बीच पळोवपाक जाल्यार संस्कृती खातीर गोंयात भेट दितात, अशें सांगले.

सर्गेस्त आल्फ्रेड रोझ हांची घरकान्न श्रीमती रिटा रोझ हांणीय ह्या वेळार आपले मनोगत व्यक्त केले.

सुरवेक कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक श्री. गुरूदास पिळर्णकर हांणी येवकाराचे उलवप केले.

एड. आयरिश रॉड्रिग्स, श्री. तोमाझिन कार्दोस, श्री. ईजिदोर दांतस हांणीय आपले विचार व्यक्त केले.

निमणे खात्याचे उपसंचालक श्री. अशोक परब हांणी उपकार मानले.

मा/वाप/एमएस/जॉन/विगा/प्रधु/२०१९/५४२

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA